# काळजा दुयेंसाचे निदान आनी उपचारांखातीर स्टॅमी यंत्रणा 15 डिसेंबराक चालीक

ता. 12 डिसेंबर 2018
21 मार्गशीर्ष 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांचे हस्तूकीं ता. 15 डिसेंबर 2018 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर गोंय वैजकीय महाविद्यालयातल्या नव्या ऑडिटोरियम तथा प्रदर्शन हॉलात आयोजित करपात येतल्या कार्यक्रमात एसटी इलेव्हेशन मायोकार्डियल इनफार्क्शन 'स्टॅमी-गोवा प्रोजेक्ट' हया यंत्रणेचो शुभारंभ जातलो.

गोंयच्या भलायकी केंद्रानी टेले-ईसीजी यंत्रणेच्या मदतीन काळजा दुयेंसा वा हार्ट अॅटेक येवपी दुयेंतीचेर बेगोबेग आनी अचूक उपचार करून काळजा दुयेंसाक लागून मरण येवप्यांचो आंकडो कमी करप हो हया कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. काळजाचो अॅटेक आयिल्ल्या दुयेंतीची टेले-ईसीजी यंत्रणेवरवीं तपासणी आनी निदान केल्याबरोबर दुयेंतीक कार्डियाक/एएलएस 108 रूग्णवाहिकेतल्यान गोंय वैजकीय महाविद्यालयात हाडटले.

राज्यात काळजा आतांक येवपी दुयेंतीचेर बेगोबेग उपचार जावचो हया दृश्टीन सुरू केल्लो हो गोंय सरकारचो म्हत्वाचो प्रकल्प आसा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1808